**M.E.S. COLLEGE OF ARTS & COMMERCE, ZUARINAGAR - GOA**
**B.A. (CBCS) III SEMESTER END (REGULAR/REPEAT) EXAMINATION, JANUARY 2022**
**DSC – KONKANI KAVITA : SIDDHANT ANI RASASWAD (KOC 103)**

**Time : 2 Hours** **Marks : 80**

**सुचोवण्यो**

1. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
2. प्रस्नां सामकार दरेकाचे गूण दाखयल्यात.

**प्र.1. सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो विस्तारान बरयात.** **(16)**

अ. मुक्तछंद कविता म्हळ्यार कितें तें सांगूनतुमी शिकिल्ल्या कांयकाव्यप्रकारांचेर उजवाड घालात.

आ. कवितेचें स्वरूप स्पश्ट करून कवितेच्यो वेगवेगळ्यो व्याख्या बरयात.

इ. देवनागरी कोंकणी कवितेचो इतिहास बरयात.

ई. काव्य अलंकार म्हणल्यार कितें तें सांगून तुमी शिकिल्ल्या अलंकाराच्या कांय प्रकारांचेर उजवाड घालात.

**प्र.2. सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> प्रस्नाची जाप विस्तारान बरयात.** **(16)**

अ. 'आदोळी' कवितेंतले अस्तुरेचे दुख्ख आनी 'दर्याचे गीत' कवितेंतल्या तारयाच्याभिरांकूळ जिविताचें चित्र कवितेच्या आदारान रंगयात.

आ. कवी संजीव वेरेंकार हांणी'एन्टिक'कवितेंतलें आनीकवी भालचंद्र गांवकार हांणी'कोयराच्या डब्यांनी'कवितेंतले खंयचें सत्य आमचे मुखार दवरलां?

**प्र.3.सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय दोनांचे</u> संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात.** **(12)**

अ. "मोग म्हजो,
"देवा येदो
जीव जरी
सान गे
हांव तुळशिचें
पान..."

आ. "झरो...

खडपाचें काळीज चिरीत
मनशांचे, गोरवां वासरांचे
बरे वायट गरजेकपावपी,
धांवपी इश्ट."

इ. "जात ना पात ना
धर्माच्यो वणटी नात"

ई. "शेतकाराल्या हुमेक
सदां उमेदिचो वास"

**प्र.4. सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो थोडेभीतर बरयात. (12)**

अ. 'डार्वीन आनी मनशाची शेंपडी' कवितेंत कवी कितें सांगूक सोदता?

आ. 'तें सुकिल्लें झाड' कवितेचो आशय तुमच्या उतरांनी स्पश्टकरात.

इ. मामाच्या गांवाची व्हडवीक कवीयत्री ग्वादालूप डायस हांणी कशे तरेन गायल्या

**प्र.5.सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय दोनांचेर</u> टिपो बरयात. (12)**

अ. 'आमची बस -एक स्केच' कवितेंतल्या बसीची गत.

आ. 'आशाढ पांवळी' कवितेंतलो आशाढ म्हयनो.

इ. 'नातें' कवितेचो आशय.

**प्र.6. (अ.) सकयल दिल्लो उतारो <u>शुध्द करून</u> बरयात. (4)**

बोलि म्हळ्यार उलयल्ली भास. सादारणपणाण जे उलयल्ले भासेक लिखीत परंपरा आसना आनी जि भास फकत उलोवपा खातीरच वापरथात, तीका बोलि म्हणटात. हे उलयल्ले बोलयेंतल्यनूच 'लिखीत भास' प्रकट जाता. बोलि ही उलयल्ली भास आशिल्ल्यान तीचें थिरीकरण जाल्लें आसना. कोकणींत बोलयेक 'मोडी' हे उतार लेगीत वापरथात.

**(आ.) सकयल दिल्ल्या कोंकणी उताऱ्याचो इंग्लिशींत अणकार करात. (4)**

पाठ्यपुस्तकां शिकून जें गिन्यान मेळटा तेंच पुराय गिन्यान न्हय. हें जग म्हणल्यारूच एक व्हडलें पुस्तक. हया जगांत हांगा- थंय भोंवून जें गिन्यान आमकां मेळटा तेंच खरें गिन्यान. भोंवडी करून आपल्या दोळ्यांनी वस्तू,सुवातो पळयतकच आमकां तांचें वास्तवीक गिन्यान मेळटा.

**(इ.) सकयल दिल्ल्या इंग्लीश उताऱ्याचो कोंकणींत अणकार करात.** **(4)**

Nature is made of everything we see around us – trees, flowers, plants, animals, sky, mountains, forests and more. Human beings depend on nature to stay alive. Nature helps us breathe, gives us food, water, shelter, medicines and clothes. We find many colors in nature which make the earth beautiful. Therefore, we should always protect the nature.

---